**प्री-मेट्रीक/ पोस्ट-मेट्रीक शिश्यवृत्ती खातीर अर्ज करपाक मुजत वाड**

ता. 30 डिसेंबर 2023

आदिवासी कल्याण खात्यावतीन "अनुसूचीत जमाती विद्‌यार्थ्यी प्री-मेट्रीक (इयत्ता IX आनी X) आनी पोस्ट-मेट्रीक शिश्यवृत्ती" ह्या केंद्र पुरस्कृत येवजणेची अंमलबजावणी करपात येता. हे येवजणेखातीर अर्ज करपा खातीर नॅशनल स्कॉलरशिप पोर्टल ( https://scholarships.gov.in ) चेर ऑनलाइन अर्ज मागोवपात येता.

आदिवासी कल्याण संचालनालयान 2023-24 वर्साच्या प्री-मेट्रीक आनी पोस्ट-मेट्रीक शिश्यवृत्ती येवजणे खातीर राष्ट्रीय शिश्यवृत्ती पोर्टलाचेर मुजत वाडयल्या. अर्ज सुपुर्द करपाची निमाणी तारीख 31 जानेवारी 2024 आसा आनी INO पांवड्यावयल्या पडताळणीची निमाणी तारीख 15 फेब्रुवारी 2024 आनी जिल्हा पांवड्यावयल्या पडताळणीची निमाणी तारीख 01 मार्च 2024 आसा.

केंद्रीय आदिवासी वेव्हार मंत्रालयान सगळ्या अर्जदारांखातीर आधारकार्ड नंबर सक्तीचें करपाचो निर्णय घेतला. पुण आधाराबगर अर्ज करपी अल्पवयीन अर्जदारांखातीर पालक वा कायदेशीर पालकांनी आधार दिवप सक्तीचें आसतले.

2024-25 वर्सा सावन आधार आदारीत बायो-मेट्रिक प्रमाणीकरण आनी eKYC सक्तीचें आसतले. पुण प्रक्रीया सोपी करपाखातीर 2023-24 वर्सा खातीर वन-टाइम पासवर्ड (OTP) आदारीत प्रमाणीकरणाक लेगीत परवानगी दितले. जाईल. नॅशनल स्कॉलरशिप पोर्टलाचेर नोंदणी करपाखातीर विद्‌यार्थ्यांनी आपलो वापरात आशिल्लो मोबायल नंबर आपल्या आधारकार्ड नंबराक लिंक केल्लो आसपाक जाय.

शिश्यवृत्ती रक्कम विद्‌यार्थ्यांच्या आधार लिंक बँक खात्यात जमा करपात येतली. संस्था प्रमुख/ नोडल अधिकाऱ्यांनी नॅशनल स्कॉलरशिप पोर्टलाचेर वचून अर्जांची पडताळणी करपाक जाय.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/970

Issued by the Department of Information & Publicity
Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.